**5 सप्टेंबराक संवसारीक नाल्ल दीस**

ता. 1 सप्टेंबर 2023

कृशी संचालनालय आनी नाल्ल विकास मंडळावतीन 5 सप्टेंबर 2023 दिसा "संवसारीक नाल्ल दीस" मनोवपात येतलो. कृशी भवन, टोंक करंजाळे हांगा आयोजीत करपात येवपी कार्यक्रमात शेतकांर, वेवसायिक, आप मजत गटांचे प्रतिनिधीं, कृशी विज्ञान केंद्राचे अधिकारी सहभागी जातले.

शेतकारांक नाल्लाचे उत्पादन, लागवड, वेपार आनी नाल्ला पासून उत्पादनां तयार करपा विशीं तज्ञांकडल्यान मार्गदर्शन करपात येतले. ह्या वेळार विविध प्रकारच्यो माडाच्यो जाती, नाल्ला पासून तयार केल्ल्या उत्पादनांचे प्रदर्शन आयोजीत करपात येतले. तशेंच उत्पादनांच्यो सर्ती आयोजीत करपात येतल्यो.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/685

--

------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.